# कृमी निर्मूलन दिसा भुरग्यांक आल्बेनडाजोल गूळी दिली

ता. 10 फेब्रुवारी 2020

राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान आयज पणजी अर्बन हेल्थ सेंटराच्या सहकार्यान मळ्यातल्या पिपल्स हायस्कुलात आयोजीत कार्यक्रमात राज्य कुटुंब कल्याण मंडळाच्यो मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. वंदना धुमे हांचे हस्तुकीं विद्यार्थ्यांक आल्बेनडाजोल ही दंतनाशक गूळी दिवन राष्ट्रीय कृमी निर्मूलन दिसाचो शुभारंभ केलो.

भुरग्यांच्या भलायकेक आनी वाडिक बादिकार थारपी दंतांचो नाश करप हो राष्ट्रीय कृमी निर्मूलन दिसाचो उद्देश आसून ह्या दिसा एक ते एकोणीस वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांक दंतनाशक गूळी दितात. दंतांक लागून भुरग्याच्या कुडीक जाय तसो पुश्टीक आहार मेळना आनी ताका लागून कुपोशण, एनेमियाची समस्या जावन भुरग्याच्या मानसीक आनी शारिरीक वाडिचेर वायट परिणाम जाता.

डॉ. धुमे हांणी कृमी निर्मुलन मोहिमेचे महत्व सांगतना ही मोहिम यशस्वी करपा खातीर शाळां आनी अंगणवाडी केंद्रांच्या सहकार्या भर दिवपात येता म्हणपाचे सांगून निरोगी समाजाखातीर लोकांनीय ह्या मोहिमेक प्रतिसाद दिवपाची मागणी केली.

पिपल्स हायस्कुलाच्यो मुख्याद्यापीका श्रीमती विभूती भांगी हांणी दंत हे भुरग्यांच्या पोटात दुखपाचे मुख्य कारण आशिल्ल्याचे सांगून नेमान दंतनाशक गूळी घेवप गरजेची आशिल्ल्याचे सांगले. तशेंच तांणी विद्यार्थ्यांक दंतांच्या दुयेसापासून पयस रावपा खातीर नितळसाण बाळगूपाची गरज आशिल्ल्याचेय सांगले.

डॉ. मनीषा कामत हांणी दंत जावपाची कारणां, भलायकेचेर जावपी परिणाम, दंत ना जावपा खातीर उपाय आनी निरोगी भलायकेविशी म्हायती करून दिली.

वैजकीय अधिकारी डॉ. सुनिता पेरणी, काउंसेलर श्रीमती दिपा मांद्रेकर, कार्यक्रम अधिकारी श्रीमती मेधा पेडणेकर आनी शाळेचे हेर शिक्षक ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

डॉ. राजेंद्र काणेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/126

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA